*गोंय सरकार*

*म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें*

*पणजी गोंय*

*सरकारी पत्रक*

**उपमुख्यमंत्र्यान बार्शे पंचायत वाठारांतल्या उदरगत कामांचो नियाळ घेतलो**

ता. 23 ऑक्टोबर 2019

उपमुख्यमंत्री श्री. चंद्रकांत (बाबू) कवळेकर हांणी काल केपे तालुक्यातल्या बार्शे ग्रामपंचायत वाठारांत चालू आशिल्ल्या उदरगत कामांच्या प्रगतीचो आनी नियोजीत उदरगत कामांचो नियाळ घेतलो.

बार्शे ग्रामपंचायतीत आयोजीत बसकेक केपेचे उपजिल्हाधिकारी श्री. रोहित कदम, मामलेदार, जोड मामलेदार, गट विकास अधिकारी, शेतकी खातें, आदिवासी कल्याण, रान खातें, भौशीक बांदकाम, उदका पुरवण, शिक्षण, पंचायत आनी हेर खात्यांचे अधिकारी तशेंच बार्शे पंचायतीचे सरपंच आनी पंच वांगडी हजर आशिल्ले.

सरपंच श्री. मालू वेळीप हांणी बार्शे पंचायत वाठारांतल्या उदरगत कामांचे नवीन प्रस्तांव उपमुख्यमंत्र्यामुखार मांडले. बार्शे वाठारांतल्या रस्त्यांचेर स्पीड ब्रेकर घालप, पंचायत घरा खातीर नवीन जागो उपलब्ध करप, रस्त्यांचे हॉटमीक्स, जायका उदका पायपलायन घालप, एसटी प्लानाखाला भुयारी वीज केबल घालप, ग्रामपंचायत विकास निधी पुरवण, नवीन रस्त्यांचे बांदकाम, राखणे वणत बांदकाम, पेव्हर्स बसोवप आनी हेर उदरगत कामांचो तातूंत आसपाव आसा.

बसकेत उलयताना श्री. कवळेकर हांणी लोकांनी वेंचून दिल्ल्या लोकप्रतिनिधीनी आपल्या वाठाराच्या आनी मतदारसंघाच्या विकासाची जबाबदारी घेवपाची गरज आशिल्ल्याचे सांगून विकास कामांबाबतीत कसलीय अडचण आसल्यार थळावे लोकप्रतिनिधी आनी संबंदीत अधिकाऱ्यांनी चर्चा करून ती सोडोवपाक सांगले.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2019/726

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA